Panaji National 10th June 2025 8.40am

देशांत फाटल्या 11 वर्सांत वेग वेगळ्या क्षेत्रांनी नेटान बदल घडल्यात अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी म्हळां.

‘किमान सरकार, कमाल प्रशासन’ या दृष्टिकोनाक लागून देशाच्या विकासाचो वेग आणि व्याप्ती बदल्ला अशे गृहमंत्री अमित शाह हाणी म्हळां.

भारतीय रेल्वे मुंबयच्या उपनगरीय रेल्वे नेटवर्कच्या सगळ्या नव्या डब्यांनी स्वयंचलित दार बंद करपाची प्रणाली बसयतले.

भारतीय विकेटकीपर-फलंदाज आनी आदलो कर्णधार एमएस धोनीचो प्रतिश्ठीत आयसीसी हॉल ऑफ फेमांत आस्पाव जाला.

PM Governance – 100

140 कोटी भारतीयांच्या आशीर्वाद आनी सामुहीक भागीदारीक लागून देशांत फाटल्या 11 वर्सांत वेग वेगळ्या क्षेत्रांनी नेटान बदल घडल्यात अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी म्हळां. एका सोशल मिडिया पोस्टांत, तांणी सांगलें की सबका साथ, सबका विकास, सबका विश्वास, सबका प्रयास ह्या तत्वाचे मार्गदर्शन घेत, एनडीए सरकारान वेगान, व्हड प्रमाणात आनी संवेदनशीलतेन अभूतपूर्व बदल घडोवन हाडल्यात. अर्थीक विकास ते समाजीक उदरगत मेरेन लोक केंद्रीत, समावेशक आनी सर्वांगीण प्रगतीचेर लक्ष केंद्रीत केलां अशें मोदी हांणी सांगलें. आयज हो देश फकत सगळ्यांत नेटान वाडपी मुखेल अर्थवेवस्था न्हय, तर हवामान बदल आनी डिजिटल नवनिर्माण ह्या सारक्या महत्त्वाच्या मुद्दयांचेर एक म्हत्वाचो जागतीक आवाज आसा अशें प्रधानमंत्र्यांनी सांगलें.

PM- SURVEY - 40

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सगळ्यांक फाटल्या 11 वर्सांतल्या भारताच्या विकास प्रवासाचेर नामो ॲपावेल्या सर्वेक्षणांत भाग घेवपाचे आवाहन केला. सोशल मिडिया पोस्टांत मोदी हांणी फाटल्या 11 वर्सांतल्या भारताच्या विकास प्रवासाबाबतच्या जन मन सर्वेक्षणाच्या पोर्टलचे लिंक शेअर केला, हातूंत कोणाकूय वाटो घेवपाक मेळटा.

Amit Shah – 60

नरेंद्र मोदी सरकाराच्या 11 वर्सांच्या काळांत देशान आर्थिक पुनरुत्थान, सामाजिक न्याय, सांस्कृतिक अभिमान आणि राष्ट्रीय सुरक्षेचे नवे युग अनुभवला अशें गृहमंत्री अमित शाह हाणी सांगलें. सरकाराच्या 11 वर्सांच्या लोक सेवेची तोखणाय करतना शाह हाणी सोशल मिडिया पोस्टांत जन सेवेच्या ह्या काळांत 'किमान सरकार, कमाल प्रशासन' या दृष्टिकोनाक लागून देशाच्या विकासाचो वेग आणि व्याप्ती ह्या दोनूय गजालींनी बदल जाला अशे म्हळें.

Railway door – 135

रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी काल मुंबयंतल्या लोकल नॉन एसी गाडयांनी स्वचालित दार बंद करपाची प्रणाली लावपा खातीर इंटिग्रेटेड कोच फॅक्टरीच्या पंगडा बरोबर सविस्तर बसका घेतली. मुंबयत लोकल ट्रैनिंन फुटबोर्डाचेर प्रवास करपी चार प्रवाशांक दुर्दैवी मरण आयले उपरांत ही बसका जाली. रेल्वे मंत्रालयान एका निवेदनात म्हळां की, सविस्तर चर्चे उपरांत, डब्यांनी योग्य व्हेंटिलेशन लक्षात घेवन नव्या नॉन एसी गाड्यो डिझाइन आणि निर्मित करपाचो निर्णय घेतला. नव्या डिझायनाची पयली गाडी अंदू नोव्हेंबर मेरेन तयार जातली आनी गरजेच्यो चांचण्यो आनी प्रमाणपत्रा उपरांत फुडल्या वर्सा जानेवारी मेरेन ती चलतली. मुंबय उपनगरी सेवां खातीर तयार जावपी 238 एसी गाडयां अतिरिक्त हें आसा अशें मंत्रालयान सांगलां.

आकाशवाणी न्यूजा कडेन उलयतना रेल्वे मंडळाचे म्हायती आनी प्रसिध्दीचे कार्यकारी संचालक दिलीप कुमार हांणी सांगलें, मुंबयच्या उपनगरांतल्या रेल्वे नेटवर्का खातीर तयार जावपी सगळ्या नव्या डब्यांचेर भारतीय रेल्वेन स्वचालित दार बंद करपाची प्रणाली लावपाचो निर्णय घेतला.

Nirmala NIIF – 85

केंद्रीय अर्थ आनी कॉर्पोरेट वेव्हार मंत्री निर्मला सीतारामन हांच्या अध्यक्षतेखाला काल नवी दिल्लींत राष्ट्रीय गुंतवणूक आनी मुळावी बांदावळ निधीच्या (NIIF) गव्हर्निंग काउन्सिलाची 6वी बसका जाली. बसकेंत केंद्रीय अर्थमंत्री आनी हेर काउन्सिल वांगड्यांनी NIIF ची कामगिरी आनी सध्याच्या निधी आनी मुखेल दिशा-निर्देशा विशीं चर्चा केली. तशेंच, एनआयआयएफची सद्याची रणनिती आनी फुडाराटलो दृष्टिकोन, एक संस्था म्हूण, एनआयआयएफ कडल्यान एकठांय

करपाच्या फुडले पिळगेच्या निधीचें स्वरूप आनी आकार आनी भांडवल एकठांय करपाचे नवे मार्ग सोदून काडपा विशीं चर्चा केली. काउंसिलांन सॉवरेन-लिंक्ड एसेट मैनेजर च्या रूपांत एनआईआईएफ च्या विकासाचे कौतुक केले.

HM Compensation – 80

शिमेच्या वाठारांनी लुकसान जाल्ल्या 2060 घरां खातीर सरकार 25 कोटी रुपयांची अतिरिक्त तरतूद करतलें. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी ऑपरेशन सिंदूर उपरांत जम्मू-काश्मीराच्या शिमेवयल्या जिल्ह्यांनी पाकिस्तानी गोळीबारांक लागून लुकसाण जाल्ल्या घरांक अतिरिक्त लुकसाण भरपाय दिवपा संबंदी घोषणा केल्ली. प्रधानमंत्र्यानि पुराय उध्वस्त जाल्ल्या दरेका घराक 2 लाख रुपया आनी काय प्रमाणात पडझड जाल्ल्या दरेका घराक एक लाख रुपया अतिरिक्त लुकसाण भरपाय दिवपाची घोशणा केल्ली अशें गृह मंत्रालयान निवेदनांत म्हणलां. मंत्रालयान या निर्णयाची जलद अंमलबजावणी सुनिश्चित केल्या. पंजाबाच्या शिमेवयल्या वाठारांनीय अशीच भरपाय दितले.

**MAHA - unique ID - 55**

महाराष्ट्र सरकार अंदूं 1 ऑक्टोबर सावन दरेका मुळाव्या साधनसुविधा उदरगत प्रकल्पा खातीर खाशेले वळखपत्र जारी करपाक सुरवात करतलें. आतां ह्या खाशेल्या वळखपत्राचेर जिओ-टॅग आशिल्लो 13 अंकांचो क्रमांक आसतलो, जो प्रकल्पाक प्रशासकीय मान्यताय मेळ्ळ्या उपरांत प्राथमीक संदर्भ क्रमांक म्हणून वापरतले. हे खातीर सोमारा सावन इन्फ्रा आयडी पोर्टल सक्रीय जाला. महाराष्ट्र मंत्रीमंडळान अंदु जानेवारीत ताका मान्यताय दिलली.

प्रसाद 170

मोदी सरकाराक 11 वरसा जालल्या निमतान गोंय सरकारा वतीन काल संकल्प से सिद्धि ही कार्यावळ फोंडया राजीव गांधी कला मंदिर हांगा घडोवन हाडली. मुखेल सोयरे म्हूण मुखेल मंत्री डॉ प्रमोद सावंत तर मानाचे सोयरे म्हूण केंद्रीय ऊर्जा आनी नवी  आनी शाश्वत ऊर्जा राज्य मंत्री श्रीपाद नाईक हाजिर आशील्ले.

मोदी सरकारच्या कार्यकाळात अछे दिन आयाल्यात. आज गोय आणि केंद्र सरकार अंत्योदय, सर्वोदय आणि ग्रामोदय तत्वाचेर लोकांचे काम करता आणि

चालता, स्वच्छ भारत अभियान बरोबरच स्वस्थ भारत अभियान देशात सुरू आसा. गोय सरकार बऱ्यात बरे साधन सुविधा दिवपक यशस्वी जाल्या. नारीशक्ती, हर घर जल, ग्रामीण विकास योजना, स्टार्टअप मिशन, डिजीटल इंडिया अश्यो जयत्यो केंद्र सरकारच्यो येवजण्यो गोयात बेस बऱ्या तरेन सुरू आसात. गोय राज्य पुरायपणान स्वयंपूर्ण जावचे म्हूण सरकार काम करीत आसा. त्या खातीर सरकारनं वेगवेगळ्यो येवजण्यो चालिक लायल्यात अशें मुखेल मंत्री डॉ प्रमोद सावंत हाणी  म्हळे. Byte

अंत्योदय तत्वाचेर सरकारचे येवजणयो पावोवपाक राज्य सरकार आणि केंद्र सरकार यशस्वी थारल्या. फाटली  11 वर्सा सरकारन प्रधानमंत्री मोदी हांच्या फुडारपणा खाला भारत देश विकसित केला. हो देश पूरायपणान विकसित करपाक दर एकल्यान हातभार लावचो अशे ह्या वेळार राज्य मंत्री श्रीपाद नाईक हाणी म्हळे.

IMD – 80

भारतीय हवामान खात्यान (IMD) आज कर्नाटकच्या दर्या देगेवेल्या आणि अंतर्गत भागात, केरळ, माहे, ओडिशा, रायलसीमा, तामिळनाडू पुडुचेरी आणि कराईकल आणि ईशान्येकडल्या राज्यांनि काय सुवातींचेर गडगड आनी उटनगराच्या पावसाचो अदमास उक्तायला. आंध्र प्रदेशातल्या दर्यादेगेवेल्या वाटारानी, अंदमान आनी निकोबार जुंवे, छत्तीसगढ,झारखंड, मराठवाडा, रायलासीमा आनी मध्य महाराष्ट्रांतल्या कांय वाठारांनीय फुडल्या 2 दिसांत गडगड आनी वादळी वारें मारपाची शक्यताय आसा. हवामान खात्यान आयज दिल्ली, हरियाणा, चंडीगढ, जम्मू-काश्मीर, लद्दाख, मध्य प्रदेश, पंजाब, राजस्थान आनी उत्तर प्रदेशांतल्या कांय वाठारांनी उष्णतेची लाट येवपाची शक्यता उक्तायल्या.

Dhoni – 65

भारतीय विकेटकीपर-फलंदाज आनी आदलो कर्णधार एमएस धोनीचो प्रतिशठीत आयसीसी हॉल ऑफ फेमांत आस्पाव जाला. अंदू भोवमान केल्ल्या सात क्रिकेट खेळगड्या मदीं धोनीचो आस्पाव आशिल्ल्याचें आंतरराष्ट्रीय क्रिकेट काउन्सिलान जाहीर केलां, तातूंत ऑस्ट्रेलियाचो मॅथ्यू हेडन आनी दक्षिण आफ्रिकेचो हाशिम आमला सारकिले व्हडले खेळगड्यांचो आस्पाव आसा.  आयसीसी हॉल ऑफ फेमांत

आस्पाव जावप ही अभिमानाची गजाल अशें धोनी हांणी सांगलें. महेंद्र सिंग धोनीन 2020 वर्सा आंतरराष्ट्रीय क्रिकेटीतल्यान निवृत्ती घेतली.